# मानादीक सभापतींचो समारोपाचो अभिप्राय

22-07-2022

1. माननीय सभासद, आमी 11 जुलय, 2022 तारखेक सुरू जाल्ले गोंय राज्याचें आठव्या विधानसभेचें दुसऱ्या अधिवेशन सोंपयतात.

2. भारताचे मानादीक राष्ट्रपती म्हूण निवडून आयिल्ल्या बद्दल हें सभाघर, श्रीमती द्रौपदी मुर्मू हांचे अभिनंदन करता.

3. श्री. कृष्णा साळकार यांनी मांडिल्ल्या आनी श्रीमती जेनीफर मोनसेरात आनी श्री उल्हास तुयेंकर यांनी अनुमोदन दिल्ल्या. प्रस्तावाचेर सभाघरान भोवमानादीक राज्यपालांक तांणी 29 मार्च, 2022, तारखेक केल्ल्या अभिभाशण पासत तांचे उपकार मानले. उपकाराच्या प्रस्तावा वांगडा दुरूस्ती प्रस्ताव आयले आनी तांचेर भासाभास जाली. ते उपरांत दुरूस्ती प्रस्ताव मतदानाक घाले आनी ते न्हयकारले आनी

राज्यपालांच्या अभिभाशणा वयल्या उपकार मानपी थारावाचेर सभाघरांत भासाभास आनी मतदान जावन तो प्रस्ताव मानून घेतलो.

4. अधिवेशना मजगती 745 तारांकीत प्रस्नांच्यो पूर्वसुचोवण्यो आनी 1,879 अतारांकीत प्रस्नांच्यो पूर्वसुचोवण्यो आयल्यो. हातूंतले 745 तारांकीत प्रस्न मानून घेतले आनी 55 तारांकीत प्रस्नांक तोंडी जाप दिली.

5. कामकाज सल्लागार समितीचो पयलो अहवाल (2022) सभाघराक सादर केलो, प्रस्ताव मतदानाक घालो आनी सभाघरान तो मानून घेतलो. हे भायर 7 शोकप्रस्ताव 11 अभिनंदनांचे प्रस्ताव सभाघरान एकमतान मानून घेतले.

6. हे भायर 286 कागदपत्रां सभाघराच्या पटलाचेर दवरली, जातूंन 56 अधिसुचोवण्यो आशिल्ल्यो. ह्या अधिवेशनांत भौशीक म्हत्वाचे ताकतिकेचे प्रस्न जातूंतल्यान सभाघराच्या वांगड्यानी आपल्या लोकशायेच्या जनादेशाक जागून वेगवेगळ्या संसदीय साधनांचो वापर करून सभाघरांचे लक्ष ओडपाखातीर ह्या अधिवेशनांत 20 लक्षवेधी सुचोवण्यो, 70 शुन्यकाळाचे उल्लेख केल्लो.

7. भौशीक म्हत्वाच्या विशया वयले वांगड्यांचे 9 खाजगी थाराव  दाखल करून घेतले. हातूतले 1 थराव मानून घेतलो. 9 थारावाचेर भासाभास जाली आनी 8 थराव सरकारकडल्यान योग्य जाप मेळटकच सभाघराचे अनुमतीन फाटी घेतले.

8. वित्तीय कामकाजाच्या संदर्भात 2022-2023 (प्रथम वांटो) अनुदानीत पुरवणी  मागण्यो सादर केल्यो, तांचेर भासाभास केली, मतदान जालें आनी त्यो सभाघरांत मानून घेतल्यो आनी ताका जोडून गोवा विनियोग विधेयक, 2022 सादर केलें, विचारांत घेतलें आनी तें मानून घेतलें.

9. गोंय अर्थसंकल्पाचेर भासाभास जाली आनी तांका जोडून गोंय विनियोग विधेयक सादर केलें, विचारांत घेतले आनी मानून घेतल. 40 सरकारी विधेयका  सभाघरान समत केली.

10. गोंय विधानसभा कार्यपद्दत आनी कामकाजाच्या नेमाचो अभ्यास करून हें कामकाज यशस्वी केल्या कारणान सभासदाची तोखणाय करता.

11. निमाणें मानदीक सभाघराचे फुडारी डॉ. प्रमोद सावंत, मानादीक विरोधी पक्ष फुडारी, मा उपसभापती तशेंच सगळ्या विधीमंडळ पक्षांचे फुडारी आनी प्रत्येक वांगड्याचे सुशासना खातीर सभाघराचो एकवट राखलो म्हणून हांव उपकार मानतां. सचीव, विधिमंडळ सचिवालयाचे अधिकारी आनी कर्मचारी वर्ग, मुख्य सचीव आनी तांचे अधिकारी आनी हेर यंत्रणा हांचे विधिमंडळ सचिवालयाक सक्षमपणान आधार दिल्ले खातीर हांव उपकार मानतां.

12. आमी आतां राष्ट्रगिता खातीर उबे रावुया.

13. हांव आतां सभाघर अनिश्चीत काळा खातीर संस्थगीत करता.

****